**वेंचणूक कामावयल्या मतदारांक  टपाल मतपत्रिके वरवीं मतदान करपा विशीं मार्गदर्शक तत्वां**

ता. 27 मार्च 2026

फोंडे विधानसभा मतदारसंघाच्या निर्वाचन अधिकाऱ्यान कळीत केला की, वेंचणूक कामावयल्या  मतदारांक टपाल मतपत्रिके वरवीं मतदान करपाची सुविधा दिल्या तांचे खातीर भारतीय वेंचणूक आयोगान  टपाल मतपत्रिके विशीं मार्गदर्शक तत्वां जारी केल्यां.

मतदान पंगड, वेंचणूक कामावेले अधिकारी, वरिश्ठ मॅजिस्ट्रेट, भरारी पंगड, एआरओ, एईआरओ आनी मतदानाच्या दिसा वेंचणूक कामाखातीर नियुक्त केल्ले कर्मचारी, जशें खाजगी व्यक्ती आनी बिगर सरकारी कर्मचारी आनी पुलीस कर्मचारी, गोंय आयआरबी आनी होमगार्डांक  ह्या सुविधेचो लाव घेवपाक मेळटलो.

वेंचणूक कामावेले  मतदार, जांणी  फॉर्म 12 भरून टपाल मतपत्रिकेचो पर्याय स्विकारला  तांकां 29, 30 आनी  31 मार्च 2026 दिसा सुविधा केंद्र, कोर्ट रूम, फोंडा मामलेदार कार्यालय, 3 रो माळो सरकारी इमारत प्रकल्प, फोंडे गोंय हांगा  मतदान करपाक मेळटले.

म्हा /सप/  / विगां/ 2026/215

--

-----------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.